# एसईसीन लॉकडावना वेळार वेवस्थेचो घेतलो नियाळ

पणजी, 7 एप्रील, 2020
चैत्र 18, 1941

राज्य कार्यकारिणी समितीची (एसईसी) गोंयच्या मुख्य सचिवांच्या (भौशीक बांदकाम खात्याचे प्रधान सचिवूय) अध्यक्षते खाला विज्ञान आनी तंत्रज्ञान प्रधान सचीव श्री. पुनीत गोयल, येरादारी सचीव श्री. एस. के. भंडारी आनी महसूल सचीव, वांगडी सचीव, एसईसी आनी एसडीएमए श्री. संजय कुमार हांच्या हजेरींत बसका घेतली.

वित्त सचीव श्री. दौलत हवालदार, पीसीसीएफ श्री. सुभाष चंद्रा, आयजीपी श्री. जसपाल सिंग, सी.ई.ओ. श्री. कुणाल, भलायकी सचीव श्रीमती नीला मोहनन, नुस्ते वेवसाय सचीव श्री. पी. एस. रेड्डी, पर्यटन सचीव श्री. जे. अशोक, पंचायत सचीव श्री. संजीव ग्रिहार, डीआयजी श्री. पर्मादित्य, कायदो सचीव श्री. सी. आर. गर्ग, नागरी पुरवण सचीव ईशा खोसला हे अधिकारी खासा आमंत्रीत म्हूण बसकेक हाजीर आशिल्ले.

भिलवाडा आदर्श धरून राज्यांत शक्य आशिल्ल्या एसएआरआय / आयएलआय दुयेंतींची घरां-घरांत वचून छाननी आपणावपाची गरज आसा. प्राथमीक / माध्यमीक शिक्षक, बीएलओ, तलाठी आनी अंगणवाडी कर्मचारी हांचो आसपाव आशिल्लो चार वांगडी पंगड घडोवन तांकां हें काम दिवप. भलायकी सचिवान हे येवजणेचेर काम करचें आनी हेर सगळ्या संबंदीत खात्यांनी सहकार्य दिवचें अशें एसईसीन सांगला.

अत्यावश्यक वस्तूंची पुरवण सुरळीत जाल्या अशी म्हायती मुख्य सचिवांच्या सचिवान एसईसीक दिली. पूण प्रधानमंत्री गरीब कल्याण येवजणे खाला फुकट वांटपाचीं कड्डणां अजून येवपाचीं आसात. एनएएफईडी वरवीं कड्डणां वेळार पावचीं म्हूण यत्न करपाचो आदेश एसईसीन दिला.

एसईसीन गोंयच्या तपासणी सुविधांच्या स्थितीचो नियाळ घेतलो. सगळ्यो दुबावीत केशी नियंत्रणांत दवरपाच्या सध्याच्या गरजेचेर आदारून तपासण्यांक प्राधान्य दिवपी एक प्रोटोकॉल घडोवपाचो आदेश एसईसीन भलायकी सचिवांक दिला.

एसआरएल लॅब्स ही एक खाजगी सुविधा पर्वरी सुरू जाल्या अशी म्हायती भलायकी सचिवांनी दिली. खंयचोय व्यक्ती आपल्याक जाय जाल्यार पयशे फारीक करून हे सुविधेंत वचून तपासणी करपाक शकता.

आतां मेरेन 18 फ्लायटांनी सुमार 2,800 विदेशी नागरिकांचें स्थलांतरण केला अशी म्हायती नोडल अधिकारी (विदेशी नागरिकां खातीर) श्री. अमित सतिजा हांणी एसईसीक दिली. विदेश वेव्हार मंत्रालय आनी हेर संबंदीत अधिकारिणीच्या संपर्कांत ते आसात.

गृह वेव्हार मंत्रालयाच्या आदेश प्रमाणें, हीं खबरदारीचीं पावलां मोडपी वा वयर दिल्ले आदेश न पाळपी व्यक्ती आड आपत्कालीन वेवस्थापन कायदो, 2005 च्या 51 ते 60 कलमांच्या तरतुदी प्रमाणें तशेंच भारतीय दंड संहितेच्या 188 कलमा खाला कायदेशीर कारवाय जातली अशें राज्य कार्यकारिणी समितीन स्पश्ट केला.

DI/NB/JA/PP/GD/2020/1813

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA